**Akashwani Panaji National news**
**3 march 2025**

**आयज संवसारीक वन्यजीव दिसा निमतान गुजरातांतल्या जूनागढ जिल्ह्यांतल्या सासान गिर हांगा नॅशनल राष्ट्रीय वन्यजीव मंडळाची बसकेची येजमानकी प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी चलयतले . मंडळांत 47 वांगडी आसात, तातूंत लश्करी मुखेल, वेगवेगळ्या राज्यांतले वांगडी, ह्या मळार काम करपी एनजीओचे प्रतिनिधी, मुखेल वन्यजीव वार्डन आनी वेगवेगळ्या राज्यांतले सचीव आसात. हें मंडळ रानवटी जनावरांचे संवर्धन आनी उदरगती खातीर वावुरता. बसके उपरांत प्रधानमंत्री मोदी सासानांतल्या कांय बायलां रान कर्मचाऱ्यां कडेनय संवाद सादतले.काल ताणी जामनगरांतल्या वंतारा जनावर बचाव केंद्राक भेट दिली. तशेंच सोमनाथ देवळाक भेट दिवन प्रार्थना केली. तशेंच सांजवेळा उसरां सोमनाथ ट्रस्टाची बसका घेतली ते शेनवारा सावन गुजराताच्या 3 दिसांच्या भोंवडेर आसात.**

---

**केंद्रीय घर आनी सहकार मंत्री अमित शाह आयज नवी दिल्लींत दुग्ध क्षेत्रांत शाश्वतपण आनी परिपत्रकताये विशीं कार्यशाळेचें उक्तावण करतले. पर्यावरणीय जापसालदारके सयत अर्थीक वाड सुनिश्चीत करतना शाश्वत दुदाच्या शेतीक चालना दिवपाचो हेतू आशिल्ल्या सहकार मंत्रालयाच्या आनी पशुपालन, दुग्ध आनी नुस्तेमारी मंत्रालयाच्या धोरणां आनी उपक्रमांचेर कार्यशाळेंत भर दितले.ह्या कार्यशाळेंत जायत्या राज्यांनी बायोगॅस प्लांट स्थापन करपा खातीर समन्वय पत्रांचेर स्वाक्षरी जातली. तातूंत दुदाच्या कोयराचे बायोगॅस, संपीडित बायोगॅस आनी सेंद्रीय साऱ्यांत रुपांतर करपी सारे वेवस्थापन मॉडेलांचेर तंत्रीक सत्रां आसतलीं.**

दिल्ली सरकार, महिला समृधी येवजणे खाला म्हयन्याक दोन हजार पांचशें रुपया दिवपा खातीर नोंदणी प्रक्रिया ह्या म्हयन्याच्या 8 तारखे सावन सुरू करतले. दिल्ली विधानसभा वेंचणुके वेळार भाजपान सत्तेर येतकच अर्थीक नदरेन कमी वर्गांतल्या बायलां खातीर ही येवजण चालीक लावपाचें उतर दिल्लें. पत्रकारां कडेन उलयतना दिल्ली भाजपा खासदार मनोज तिवारी हांणी सांगलें, एका म्हयन्या भितर पात्र गरीब बायलांक वळखून घेतले आनी निधी हस्तांतरणाची प्रक्रिया बेगीन सुरू जातली.

---

---

प्रस्तावीत द्विपक्षीय वेपार करारा खातीर भारत आनी अमेरिकेचीं संयुक्त संस्थानां वाटाघाटी सुरू करपाक तयार जाल्ल्यान वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री पीयूष गोयल हांची वॉशिंग्टन भेट आयज सुरू जातली. अमेरिकेचे वेपार प्रतिनिधी जेमीसन ग्रीर आनी अमेरिकेचे वाणिज्य सचीव हॉवर्ड लुटनिक हांचे कडेन मंत्री गोयल उलोवणी करतले . हालींच प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांच्या वॉशिंग्टन भेटी वेळार भारत आनी अमेरिकेन 2030 मेरेन द्विमार्गी वेपार दुपेटी परस चड करून 500 अब्ज अमेरिकन डॉलर करपाची आनी 2025 वर्साच्या पावसा मेरेन परस्पर फायद्याच्या, बहुक्षेत्रीय द्विपक्षीय वेपार कराराच्या पयल्या पांवड्याचेर वाटाघाटी करपाची वचनबद्धताय जाहीर केल्या.

---

---

**जम्मू-काश्मीर विधानसभेच्या म्हयन्याभर चलपी अर्थसंकल्पीय अधिवेशन आयज जम्मू हांगा उपराज्यपाल मनोज सिन्हा हांच्या मार्गदर्शनन  सुरू जातलें. फाटल्या वर्सा ऑक्टोबरांत सत्ता हातांत घेतले उपरांत मुखेलमंत्री Omar अब्दुल्लाच्या फुडारपणा खाला राष्ट्रीय परिशदेच्या सरकाराचें हें पयलें अर्थसंकल्प आसतलें. निमाणें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन 2018 वर्सा आदल्या जम्मू-काश्मीर राज्यांत पीडीपी-भाजपा सरकाराच्या काळांत जाल्लें.वित्त खातें सांबाळपी मुखेलमंत्री ओमर अब्दुल्ला 7 मार्चाक अर्थसंकल्प सादर करतले.**

---

---

**कोळसो मंत्रालय आयज गुजरातांतल्या गांधीनगरांत वेपारी कोळसो खणी लिलाव आनी गुंतवणूक संद हांचेर रोडशो आयोजीत करतलें. वेपारी कोळसो खणकाम करपाक आनी खाजगी गुंतवणूक आकर्शीत करपा खातीर मंत्रालयाच्या चालू यत्नांतल्यान हो रोडशो आयोजीत केला. भारताच्या कोळसो क्षेत्रांत खाजगी क्षेत्राचो वांटो वेगवान करपा खातीर उद्देगीक भागधारक, संभाव्य गुंतवणूकदार, आनी धोरण निर्मात्यांक एकठांय हाडपाचो हे कार्यावळीचो हेत आसा.केंद्रीय कोळसो आनी खण राज्यमंत्री सतीश चंद्र दुबे मुखेल सोयरो म्हूण आसतले . कोळसो मंत्रालयाचे अतिरिक्त सचीव रुपिंदर ब्रार, मंत्रालयाचे वरिश्ठ अधिकारी हांचे वांगडाय ह्या कार्यावळीक हाजीर रावपाचे आसात.**

---

---

---

**आप फुडारपणा खाला दिल्ली सरकाराच्या काळा संबंदीत भौशीक भलायकी मुळाव्या साधनसुविधा आनी भलायकी सेवा वेवस्थापनाचेर कामगिरी लेखापरीक्षणाचेर कॅग अहवालाचेर दिल्ली विधानसभा आयज परतून चर्चा सुरू करतली. हो अहवाल दिल्लीचयो मुखेलमंत्री  रेखा गुप्ता 28 फेब्रुवारीक विधानसभेंत मांडलो. 2016-17 ते 2021-22 अहवालांत, कोवीड काळांत निधीचो कमी वापर, प्रकल्प चालीक लावपाक कळाव, शारांतल्या हॉस्पिटलांनी वखदां आनी कर्मचाऱ्यांचो उणाव हाचेर भर दिला.**

**कोवीड काळांत केंद्रा कडल्यान मेळिल्ल्या सुमार 788 कोटी रुपयांतल्यान आदल्या सरकारान सुमार 543 कोटी रुपयांचो वापर केल्ल्याचेंय अहवालांतल्यान उक्तें जालां.**

**मध्य प्रदेशांत आतां शेतकारांक 5 रुपया खातीर कायम वीज जोडणी दितले. काल भोपाळांत आयोजीत केल्ल्या किसान आभार सम्मेलनांत मुखेलमंत्री dr मोहन यादव हांणी ही सुविधा पुराय राज्यांतल्या शेतकारांक मेळटली अशें सांगलें. उण्यांत उण्या दरांत वीज जोडणी दिवपाची प्रक्रिया तात्काळ प्रभावीपणान मध्य प्रदेशांतल्यान सुरू जाता अशी म्हायती ताणी दिली. तशेंच राज्य सरकार फुडल्या तीन वर्सांत शेतकारांक 30 लाख सौर पंप दिवन वीज निर्मितींत स्वताचेर आदारून रावपाक दितले. सोलर पंप धोरणा खाला दर वर्सा 10 लाख जोडणी दितले. इतलेंच न्हय, सौर उर्जेतल्यान शेतकारांनी तयार केल्ली वीज विकत घेतली आनी तांकां रोख पयशे दितले.**

---

---

**महाराष्ट्र राज्य विधीमंडळाचें अर्थसंकल्पीय अधिवेशन आयज राज्यपाल सीपी राधाकृष्णन हांच्या मार्गदर्शनन सुरू जातलें. उपमुखेलमंत्री आनी अर्थमंत्री अजीत पवार 10 मार्चाक अर्थसंकल्प सादर करतले, राज्य सरकार समतोल अर्थसंकल्प सादर करतलें आनी अर्थीक गजाली तिगोवन दवरतले अशें मुखेलमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांणी सांगलां. भांडवल खर्चाचेर परिणाम जावचो ना हाची जतनाय अर्थसंकल्पांत जातली अशें तांणी सांगलें. अशें करतना खंयचीच मुखेल येवजण बंद करचे नात अशेंय तांणी आश्वासन दिलें. विरोधी पक्षांनी सहकार दिवपाक जाय अशा सगळ्या विधेयकांचेर चर्चा करपाक सरकार तयार आसा अशें मुखेलमंत्रीयनी सांगलें. हें अधिवेशन 26 मार्च मेरेन चालू आसतलें.**

---

---

**दिल्ली उच्च न्यायालयान शाळांनी स्मार्टफोन वापरपा खातीर जायत्यो मार्गदर्शक तत्वां जारी करून सांगलां की, विद्यार्थ्यांक स्मार्टफोन व्हरपाक बंदी घालची न्हय, पूण शाळेंत मोबायल वापरपाचेर नियंत्रण दवरचें पडटलें. न्यायाधीश अनुप जयराम भांभानी हांच्या खंडपिठान सांगलें की शाळांनी विद्यार्थ्यांक जबाबदार ऑनलायन वागणूक, डिजिटल शिश्टाचार, आनी स्मार्टफोनाचो नैतीक वापर हांचे विशीं शिक्षण दिवचें पडटलें आनी उच्च पातळेचेर स्क्रीन वेळ आनी सोशल मिडियाचेर वांटो घेवपाक लागून , लक्ष उणें जावप आनी सायबर गूनयाव निर्माण जावंक शकता असो सल्लो दिवचो पडटलो अशें सांगलें. शाळेच्या सादारण वाठारांनी तशेंच शाळेच्या वाहनांत स्मार्टफोनाचेर कॅमेरे आनी रेकॉर्डिंग सुविधा वापरपाचेरूय बंदी घालची. शाळेंत स्मार्टफोनाच्या वापराचेर नियंत्रण आनी निरिक्षण करपाचें धोरण पालक, शिक्षणतज्ञ आनी तज्ञ हांचे सल्ल्यान करचें, जाका लागून संबंदीत सगळ्या पक्षांची गरज आनी हुस्को हाताळपी समतोल पद्दत तयार करपाक जाय. न्यायमूर्ती भांभणीच्या खंडपिठान शाळांनी स्मार्टफोन वापरपा खातीर मार्गदर्शक तत्वां मांडपाक केंद्र विद्यालय संगठनान उलो मारला.**

---

---

**डिसेंबर 2026 वर्सा गंगा उदका नूतनीकरण कबलातीची समाप्ति विशीं संवाद मुखार व्हरपा खातीर भारतीय आनी बांगलादेशी न्हंय तज्ञ आयज अस्तंत बंगालांतल्या Farakka भेट दितले आनी 11 वांगड्याच्या भारतीय शिश्टमंडळा वांगडा निरिक्षणांत वांटो घेवपा खातीर 11 वांगड्याचो बांगलादेश पंगड फरक्का हांगा आसतले .**

---